# <u>प्रादेशीक खबरो</u>

## <u>९ जानेवारी २०२५, सांजेची ७.२० वरां.</u>

**मुखेल खबरो,**

गोंय सरकारान १६व्या वित्त आयोगाकडेन ३६०० कोटी रूपय्यो मागण्यो मांडल्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यांनी दिल्या.

गोंय विधीकार मंचावतीन आयज गोंय विधीकार दीस मनयलो.

सर्गेस्त विजया नायक हांच्या चवथ्या पुण्यतिथी निमतान ११ जानेवारी ते १७ जानेवारी मजगतीं भव्य कार्यावळ आयोजित केल्या.

अनुसुचीत जमातींच्या कल्याणा खातीर काम करपी बिगर सरकारी संस्थां खातीर अनुदान येवजण  घोशीत केल्या.

**<u>वित्त आयोग - सीएम -</u>**

सीएसएस खाला ९० : १० निधी वाटपाचो फॉर्म्युला गोंयांक लागू करचो : मुखेलमंत्री
केंद्रीय येवजणे खाला गोंयांक ९० : १० प्रमाण निधी मेळचो. विकसीत भारत २०४७ खाला २०३७ मेरेन गोंयची उदरगत जावपाक आदर्श राज्य म्हणून गोंयांक फुडें हाडपाची गरज आसा. १६व्या वित्त आयोगा मुखार ही बाब मांडिल्याची माहीती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.

मजगतीं, गोंयांन केंद्रीय निधींतल्यान १.७६ टक्के निधीची मागणी केल्ल्याचें वित्त आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. अरविंद पनगारिया हांणी पत्रकार परिशदेंत सांगलें.

डॉ. अरविंद पनगारिया हांचे अध्यक्षते खाला १६वो वित्त आयोग गोंय भेटीचेर आयला. आयज सकाळीं वित्त आयोगाची मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मंत्र्यां वांगडा

बसका जाली. हे बसकेक सरकारी अधिकारी हाजीर आशिल्ले. आयज आनी फाल्यां अशे दोन दीस वित्त आयोग गोंयांत आसतलो.

विवीध खात्यां खातीर सरकारान ३२७०६ कोटींची मागणी आयोगाकडेन केल्या. उत्तरी पूर्व राज्यां खातीर सीएसएस येवजणे खातीर ९० : १० असो फॉर्म्युला वापरिल्लो. होच फॉर्म्युला गोंयांक लागू करचो, अशी मागणी सरकारान केली. पर्यटन, शिक्षण, मुळाव्यो सुविधा, शेती हाचे खातीर बरो निधी मेळचो म्हणून उपेगी सादरीकरण केल्ल्याचें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बसके उपरांत सांगलें.

कराच्या निधीचो वाटा ४१ टक्क्यां वेल्यान ५० टक्क्यां मेरेन वाडोवचो, अशी मागणी गोंय सरकारान केली. तशेंच निधीचो वाटा ०.३८६ टक्क्यांवेल्यान १.७६ टक्क्यां मेरेन वाडोवचो, अशी मागणी जाली. आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. अरविंद पनगारिया हांणी पत्रकार परिशदेंत ही माहिती दिली.

गोंय सरकारा वांगडा बसका जाले उपरांत वित्त आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. अरविंद पनगारिया हांणी पत्रकार परिशद घेतली. ह्या वेळार हेर वांगडी आनी अधिकारी हजर आशिल्ले.

तरेकवार १३ प्रकल्पां खातीर गोंयांन ३२७४६ कोटी रूपया मागल्यात. गोंय हें पर्यटन राज्य. आकार आनी लोकसंख्या जरी उणी आसली तरी लोकसंख्ये परस चड लोक हांगा राविल्ल्यान आदले परस चड निधीची मागणी गोंयान केल्या. ह्यान पयलीं आमी १४ राज्यांक भेट दिल्या. गोंय हें १५वें राज्य. राज्यांचे मागणेचो विचार करीत आयोग केंद्र सरकाराक निधी विशीं शिफारस करता. निमाणो निर्णय केंद्र सरकार घेता, अशे डॉ. पनगारिया हांणी म्हणलें.

**<u>गोंय विधिकार दीस मनयलो</u>**

गोंय विधिकार मंचावतीन आयज पर्वरे विधानसभा प्रकल्पात आयोजीत कार्यक्रमात गोंय विधिकार दीस मनयलो. गोंय विधिकार दीस कार्यक्रमाक गोंयचे आदले आमदार आनी खासदार उपस्थित आशिल्लें. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण हजर आशिल्लें. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या आजी-माजी आमदांर आनी खासदारांक एकठाय हाडपाचो कार्यक्रम आयोजीत केल्ले खातीर मंचाचे अभिनंदन केले.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान मंचान ह्या वेळार उपस्थित केल्ल्या म्हादय न्हंय, नितळ आनी हरीत गोंय आनी हेर प्रस्नांनी गोंय सरकार लक्ष घालतले, अशें सांगलें. सरकारान अर्थिक तजवीज करून वेगवेगळ्या मळार सुदारणां करपाचे काम सुरू केल्ले आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार गोंय विधानसभेच्या 1989 – 94 च्या वांगड्यांचो भोवमान केलो. मुख्यमंत्र्यान भोवमान जाल्ल्या आदल्या विधानसभा वांगड्यांचे अभिनंदन करून तांणी गोंय राज्याच्या विकासा खातीर म्हत्वाचे योगदान दिल्ले खातीर तांचे उपकार मानले.

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात गोंय विधिकार मंचाच्या सांबार उपक्रमांची म्हायती दिली. नव्या नेतृत्वाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर युवा संसद हो एक म्हत्वाचो कार्यक्रम मंचावतीन आयोजीत करपात येता, अशें तांणी सांगलें. गोंय राज्याच्या परजळीत फुडारा खातीर आजी-माजी आमदांर, खासदांर आनी लोकांनी एकवटान योगदान दिवपाची गरज आशिल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

विरोधी पक्ष फुडारी श्री. युरी आलेमांव हांणी म्हादय न्हंयचे उदक वळोवपाचो वाद, कॅसिनोचेर बंदी, गोंयची प्रतीमा इबाडपाचे प्रकरण आनी हेर संबंदीत प्रस्नांनी सरकारान लक्ष घालपाची गरज उक्तायली.

गोंय विधिकार मंचाचे खजीनदार सदानंद मळीक हांणी मंचाचो 2023-24 वर्साचो लेखा अहवाल सादर केलो.

सुरवातीक मंचान आदले आमदार सर्गेस्त फ्रांसिस मोन्त कृज आनी सुरेश परूळेकर हांका श्रध्दांजली ओपली.

गोंय विधिकार मंचाचे उपाध्यक्ष विक्टर गोन्साल्विस हांणी निमाणे उपकार मानले.

विधानसभा सचीव नम्रता उल्मन आनी हेर अधिकारीय कार्यावळींक हाजीर आशिल्लें.

**मडगाव: धुवरेच्या उज्याक लागून रेल्वे संचारण यंत्रणा कोसळ्ळी**
**चार वरां रेल्वे वेळापत्रक खंडीत: जायत्या रेल्वे गाडयांक कळाव**

मडगांव रेल्वे स्टेशनालागीं कांय जाणांनी आयज फांतोडेर पडिल्ले थंडेपासून राखण मेळपाखातीर धुवरी पेटयल्ली. त्या धुुवरेचो उजो रेल्वेची संकेत प्रणाली चलोवपी केबलांक लागिल्ल्यान केबल पुरायपणान जळ्ळें आनी त्या खातीर गोंय सावन हेर राज्यांत वचपी रेल्वे वेवस्था सुमार चार वरां कोसळ्ळी. ताका लागून रेल्वेच्या संचारण वेवस्थेक म्हळ्यारच सिग्नल वेवस्थेचे व्हड प्रमाणांत लुकसाण जालें.

कोंकण रेल्वे स्टेशनाच्या भायर हॉटेल रविराज लागसार ही घडणूक घडली. दिसपट्ट्या पगाराचेर काम करपी काय हमाल ह्या वाठारांत रावतात. हो उजो त्याच हमालांच्या पंगडान पेटयिल्लो अशी म्हायती कोकण रेल्वे सुत्रान दिली. रेल्वे संकेत प्रणाली बंद जाल्ल्यान कोंकण रेल्वे आनी दक्षिण पश्चिम रेल्वे मार्गावयल्या जायत्या गाडयांचेर परिणाम जाल्लो. सिग्नल मेळूंक नाशिल्ल्यान ह्यो गाडयो वेगवेगळ्या रेल्वे स्टेशनावर बंद करुन दवरपाची पाळी आयली.

कोंकण रेल्वेचे जनसंपर्क अधिकारी बाबन घाटगे हांचेकडेन संपर्क सादलो तेन्ना चार वरां अथक वावर करून सिग्नल प्रणाली परतून सुरू केल्या अशी म्हायती दिली. मडगांव पुलिसां कडेन संपर्क सादलो तेन्ना हे संबंदी कोणाचेरूय कागाळ दाखल जावंक ना अशें तांणी सांगलें.

**<u>विजया  नायक मोमोरियल</u>**

सरगेस्त श्रीमती विजया नायक हांच्या चवथ्या पुण्यतिथीच्या निमतान श्रीमती विजय नायक मेमोरियल ट्रस्टान 11 जानेवारी 2025 ते 17 जानेवारी 2025 मेरेन एक भव्य कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ही कार्यावळ केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हांच्या आडपई फोंडा हांगाच्या घरात श्री रामनाथ भवनांत जातलीं . ह्या वेळार सांगलींतलयो राष्ट्रीय कीर्तंकार आनी कथाकार संध्याताई संतोष पाठक ह्यांचे श्रीमद देवी भागवत कथाचें सादरीकरण सप्तक भर चालू उरतलें . हे संबंदाची एक पत्रकार परिशद फोंडा हांगा जाली. ह्या संदर्भार केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हाचो पूत सिद्धेश नायक हांणी पत्रकार परिषदेत माहिती दिली. ह्या वेळार विद्या वृद्धी विद्यालयाचे संचालक रुक्मी डांगी, अॅड मनोहर आडपईकर, डॉ गोविंद काळे आनी सुभाष नायक हे मानेस्त हाजीर आशिल्ले. 11 जानेवारी सावन दर दिसा सांजवेळा 4:30 वरांचेर श्रीमद देवी भागवत कथा सप्तक सुरू जातली, उक्तवण सुवळ्यक केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक, गोंय राज्य वीज मंत्री सुधीन धवलीकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आसतले,11 ते 17 जानेवारी मेरेन दर दिसा सांजवेळा 5 ते 8 मेरेनसावन श्रीमद देवी भागवत कथा सादर जातली.

प्रसाद नेत्रालय उडुपीच्या सौजन्यान 12 जानेवारीक सकाळीं 9:30 ते दनपारां 12:30 मेरेन दोळ्यांच्या क्लिनीक शिबिराचें आयोजन केलां, दोळ्यांच्या दुयेंतींक फुकट चश्मे दितले आनी गरज पडल्यार तांचेर फुकट दोळ्यांची शस्त्रक्रिया जातली.

अखिल भारतीय आयुर्वेदिक हॉस्पिटल, धारगलाच्या सौजन्यान 14 जानेवारीक सकाळीं 9:30 ते दनपारां 12:30 मेरेन आयुर्वेदिक शिबिर आयोजीत केला.

आयुश संशोधन केंद्र रायबंदराच्या सौजन्यान 15 जानेवारीक सकाळीं 9:30 ते दनपारां 12:30 मेरेन होमियोपॅथी आनी नेचुरोपॅथी शिबिर जातलें. गोवा मेडिकलाच्या सौजन्यान 16 जानेवारी वेर सकाळीं 9.30 ते दनपारां 12:30 मेरेन दंतचिकित्सा शिबिराचे आयोजन केला. ह्या सगळ्या शिबिरांचो फायदो लोकांनी घेवचो अशें आयोजकांनी आवाहन केलां. 17 जानेवारीक दनपारां होम हवन आनी महाप्रसाद जातलो, जाल्यार सांजवेळा 5 ते 8 वरां मजगतीं श्रीमद् देवी भागवत कथा निरुपन सप्तक सोंपतले अशी म्हायती ह्या वेळार आयोजकांनी दिली.

**एसटी समाजाच्या कल्याणा खातीर काम करपी बिगर सरकारी संस्थांखातीर अनुदान येवजण**

गोंय राज्यांतल्या अनुसूचीत जमातीच्या (एसटी) कल्याणाखातीर काम करपी बिगर सरकारी संस्थांक अर्थीक मदत करपा खातीर आदिवासी कल्याण संचालनालया वतीन केंद्रीय आदिवासी मंत्रालय पुरस्कृत येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. शिक्षण क्षेत्रात एसटी समाजातल्या विद्यार्थ्यां खातीर अनिवासी आनी निवासी शाळां आनी हॉस्टेल चलोवप आनी देखभाल, भलायकी क्षेत्रात हॉस्पिटल, दवाखानो चलोवप, भोवतो दवाखानो चलोवप आनी उपजीवीका क्षेत्रात शेती, नुस्तेमारी, दुद वेवसाय, उदका संवर्धन, सेंद्रीय/सैमिक शेती अशां प्रकल्पा खातीर आपवावूरपी संस्थांखातीर अर्थीक मदत दितात.

हे येवजणांखाला अर्थीक लाव घेवपा खातीर आपवावूरपी संस्थांनी केंद्रीय आदिवासी मंत्रालयाच्या www.ngo.tribal.gov.in. ह्या व्हेबसायटीचेर भेट दिवची वा आदिवासी कल्याण संचालनालय, श्रमशक्ती भवन पाटो पणजी गोंय हांगा संपर्क करचो.

**दिलीप बेतकेकर**

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण खऱ्या अर्थान चालीक लागतले जाल्यार शिक्षकांनी तें नीट समजून घेवचें पडटलें अशें शिक्षण तज्ञ दिलीप बेतकेकर हांणी सांगलें. ते आयज खांडेपारच्या एम. आय. बी. के. हायस्कूल सभाघरात कुर्टी उच्च शाळा समुहान घडोवन हाडिल्ल्या परिसंवादात उलयताले. राष्ट्रीय शिक्षण धोरणांत - विद्यार्थी केंद्रीत शिकोवपाच्या आनी शिकपाच्या वावरात प्रत्यक्ष वर्गात काम जावपाची गरज बेतकीकर हांणी उक्तायली. दादा वैद्य हायस्कूल , सेंट मेरी हायस्कूल , एम. आय. बी. के. हायस्कूल आनी स्वस्तीक विद्यालय आनी श्री अमेय उच्च माध्यमिक ह्या शाळांतले १०० शिक्षक ह्या परिसंवादाक हजर आशिल्ले. कुर्टी उच्च शाळा समुहाच्या अध्यक्षांनी येवकाराचे उलोवप केले. शाळा समुहाचे सगळे मुखेली ह्या वेळार हजर आशिल्ले. सी एम गुरू वसिष्ठ परस्कार फावो जाल्ले हेडमास्टर शिरीशकुमार आमशेकर हांचो ह्या वेळार भोवमान जालो.

**लोकोत्सवात कला प्रदर्शनाचे आयोजन**

**गोंयचे चित्रकांर आनी शिल्पकलाकारां कडल्यान प्रवेशीकाः मागयल्यात**

कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन पश्चिम विभाग सांस्कृतीक केंद्र, उदयपूर हांच्या जोड पालवान दर्या संगम, कला अकादमी, कांपाल हांगा 17 ते 26 जानेवारी 2025 मेरेन आयोजीत करपात येवपी वर्सुकीं राष्ट्रीय लोकोत्सवात गोंयच्या कलाकारांचे खास पेंटींग्स आनी शिल्पकला प्रदर्शन आयोजीत करपात येतले. गोंयचे नामनेचे लेखक सर्गेस्त रविंद्र केळेकर आनी सर्गेस्त मनोहर राय सरदेसाय हांच्या जल्म शताब्दी वर्सानिमतान आयोजीत करतले. राष्ट्रीय लोकोत्सवात गोंयच्या कलाकारांक आपल्या कलेचे प्रदर्शन मांडपाची संद मेळटली.

ह्या कला प्रदर्शनात भाग घेवपा खातीर गोंयचे चित्रकांर आनी शिल्पकलाकारां कडल्यान प्रवेशीका मागयल्यात. प्रवेशीका 13 आनी 14 जानेवारी 2025 मेरेन कला अकादमीच्या कार्यालयांत पावपाक जाय. चित्रकांर आनी शिल्पकलाकारांनी आपले एक पेंटीग/शिल्पकला कलाकृतीच्या म्हायती सयत प्रवेशीके वांगडा सुपूर्द करपाक जाय. प्रवेशीका अर्ज कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या कार्यालयांत उपलब्ध आसा. चड म्हायती खातीर 0832-2404630/2404606/600 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

**प्रसार भारती**

प्रसार भारती खबरा विभागा वतीन आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर पूर्ण वेळ कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपाक कार्यकारी संपादक म्हण एक तशेच अनुवादक- खबरावाचक म्हण एक अशा दोन सुवातींचेर दोन वर्सा खाती खातीर काम करपाक अर्ज मागयता. ही सेवा शुध्द कंत्राटी तत्वाचेर आसतली आणि म्हयन्याक विना अट ४० ते ५० हजार एकत्र पगार आसतलो हेर म्हाईती खातीर, अटी आनी तपशिलाखतीर प्रसारभारतीच्या संकेतथळावेल्या रिक्त पदांची घोशणा विभाग पळोवचो